# एससी/एसटी विद्यार्थी आनी युवकांखातीर कार्यशाळा

ता.9 मे 2018
19 वैशाख 1940

कला आनी संस्कृती संचालनालयान एससी आनी एसटी विकास येवजणेखाला गोंयच्या एससी आनी एसटी विद्यार्थी आनी युवकांखातीर दोन कार्यशाळांचे आयोजन केला. पयली कार्यशाळा ता. 21 ते 25 ते 2018 मेरेन शिक्षा सदन प्रियोळ-फोंडा हांगा आनी दुसरी कार्यशाळा ता. 27 ते 31 मे 2018 मेरेन भगवती हायस्कूल पेडणे हांगा आयोजीत करतले.

सकाळी 9.30 ते दनपरा 1.00 मेरेन जावपी कार्यशाळेत बेस्ट आऊट ऑफ वेस्ट, फुलां तयार करप, ज्यूटापासून वस्तूं तयार करप, शिंपयापासून वस्तू तयार करप, नाट्य कला अशा पारंपारिक हस्तकलांचे प्रशिक्षण दितले. पयली येवप्याक पयली ह्या प्रमाण 150 विद्यार्थी/युवकांक प्रवेश दितले.

इत्सूक उमेदवारांनी कला आनी संस्कृती संचालनालय संस्कृती भवन पाटो पणजी हांगाच्यान प्रवेश अर्ज मेळोवचे आनी ते भरून ता. 15 मे 2018 मेरेन संचालनालयाच्या कार्यालयात सूपूर्द करचे.